# गोंय वैजकीय महाविद्यालय वाठारात नितळसाण मोहिम

ता. 1 जानेवारी 2019
11 पौष 1940

राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांच्या फुडारपणान आयज बांबोळे गोंय वैजकीय महाविद्यालया सामकार नितळसाण मोहिमेचो कार्यक्रम जालो. सांताक्रुज आनी कुडका ग्रामपंचायतीसयत गोंय वैजकीय महाविद्यालय आनी पंचायत खात्याच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या हया नितळसाण मोहिमेत राजभवन कार्यालयातले अधिकारी आनी कर्मचा-यांनी वाटो घेतलो.

गोंय वैजकीय महाविद्यालया सामकारच्या रस्त्याकुशीचो वाठार प्लास्टीक आनी हेर कोयराक लागून घाण जाल्लो आनी राज्यपालान हया कोयराविशी हुस्को उक्तायिल्लो. गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या सरभोवतणचो वाठार नितळ करपा खातीर सांताक्रुज आनी कुडका ग्रामपंचायतीचे सरपंच तशेच पंचायत खाते आनी गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या अधिका-यांक बेगीनात बेगीन उपायक करपाचो आदेश फाटल्या सप्तकात दिल्लो.

मुख्यमंत्र्याचे सचिव श्री. जे. अशोककुमार आनी गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन श्री. प्रदीप नाईक हांणी राज्यपालाक नितळसाण मोहिमेच्या थळार येवकार दिलो. राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकूर, जोड सचिव बिजू नाईक, राज्यपालाचे विशेश अधिकारी श्री. अंशूमन अभिषेक आनी ए. कल्याण हर्ष हांचीय हयावेळार उपस्थिती आशिल्ली.

पंचायत संचालक श्री. राजन सातार्डेकर, सांताक्रुजच्यो सरपंच श्रीमती दिशा डी.कवळेकर, कुडकाच्यो सरपंच श्रीमती रोशन पी. वेर्णेकर, तिसवाडीचे गटविकास अधिकारी श्री. दिपक वायंगणकर, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्री. लेविन्सन मार्टिन, श्री. विकास गावणेकर, श्री. महेश खोर्जुवेकर, गोपाळ पार्सेकर, दत्ताराम सरदेसाय, श्रीमती सिध्दी हळर्णकर, दशरथ रेडकर, विनायक वळवईकर आनी हेर अधिका-यांनीय नितळसाण मोहिमेत वाटो घेतलो.

राज्यपालान संबंदीत लोकप्रतिनिधी आनी अधिका-यांक गोंय वैजकीय महाविद्यालयाच्या सरभवतणचो वाठार नितळ दवरपाखातीर नेमान नितळसाण कार्यक्रम आयोजित करपाक सांगले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2019/03